**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', लो मजलो1, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 2, वर्स 2020**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.02.2020 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतलो.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. नॅफ्रॉलॉजींत सहयोगी प्राध्यापक (Associate Professor in Nephrology) .......1 पद**

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय- **45 वर्सां परस उणी**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) **भारतीय वैजकी मंडळ कायदो,1956 (1956** चो कायदो क्र.102) **चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्‍या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956** (1956 चो कायदो क्र.102) च्या **कलम 13** पोट-कलम **(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.** (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम

हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेतल्यान वैजकी पदवी (डी.ऍम)/मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम. सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत उण्यांत उणो चार वर्सां शिकोवपाचो/संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.ऍम) / मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम. सीएच) ची पदवी प्राप्त उमेदवाराक अणभवाची आवश्यकता आसची ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

**2. नॅफ्रॉलॉजींत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Nephrology) .....1 पद**

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) पिराय- **45 वर्सां परस उणी**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) **भारतीय वैजकी मंडळ कायदो,1956** (1956 चो कायदो क्र.102) **चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग ॥ (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्या परिशिश्टाच्या भाग ॥ प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956** (1956 चो कायदो क्र.102) च्या **कलम 13** पोट-कलम **(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.** (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेंतल्यान खासा विशेशतायेंत वैजकी पदवी (डी.ऍम)/मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम. सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत उण्यांत उणो एका वर्साचो शिकोवपाचो आनी/वा संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.ऍम) / मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम. सीएच) ची पदवी प्राप्त उमेदवाराक अणभवाची आवश्यकता आसची ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## II. भलायकी सेवा संचालनालय

**3. वैजकी अधिकारी (Medical Officer) .....1 पद ( हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+5400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय- **45 वर्सां परस उणी**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक: : शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्याताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरीच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय  वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 18 (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय वा गोंय वैजकी विद्यालयाची (मॅडिको चिरूरजिया) पदवी आसूंक जाय. (ii) सक्तिची रोटेटींग इंटर्नशीप पुराय करूंक जाय.  (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक –** (i) प्रकरणां प्रमाणें, सामान्य चिकित्सेंत प्रॅक्टीस केल्याचो वा संबंदीत विशेशतायेंत अणभव (ii) मराठीचें गिन्यान.

## III. उच्च शिक्षण संचालनालय

4. **सरकारी महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक:(Assistant Professor in Government College):**

**(i) इतिहास (History)   ....... 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(ii) इंग्लीश (English)    ....... 7 पदां (2 पदां हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत आनी 1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)**

**(iii) अर्थशास्त्र (Economics)  (1 सुवात इकॉनॉमॅट्रीक्सांत (Econometrics) आनी 3 सुवाती इकॉनॉमीक्सांत)           ......... 4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**(iv) वाणिज्य  (commerce).........16 पदां (4 पदां हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत, 4 पदां अनुसुचीत जमाती खातीर आनी 1 पद अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत)**

**(v) हिन्दी             .......... 2 पदां   (1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)**

(vi) भुगोल (Geography) ( 2 सुवातो भूसुचनाविज्ञान (Geoinformatics) आनी 4 सुवाती भुगोला (Geography) खातीर)

................. 6 पदां (2 पदां अनुसुचीत जमाती खातीर आनी 1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(vii) मराठी ............... 2 पदां

(viii) गणीत (Mathematics)........ 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(ix) कोंकणी ................ 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आनी 1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)

(x) मानसशास्त्र (Psychology) ........... 2 पदां

(xi) रसायनशास्त्र (भौतीक) chemistry (Physical)........ 5पदां (2 हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(xii) रसायनशास्त्र (सेंद्रीय) Chemistry (Organic)........ 2 पदां

(xiii) रसायनशास्त्र (असेंद्रीय) Chemistry (Inorganic) ........ 3पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(xiv) अणुजीवशास्त्र (Microbiology) ........ 4 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(xv) वनस्पतशास्त्र (Botany) ................. 1 पद

(xvi) प्राणीशास्त्र (Zoology) ...................3पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

(xvii) भौतिक विज्ञान (Physics) ...................2 पदां

(xviii) राज्यशास्त्र (Political Science) ........ 1 पद

(xix) समाजशास्त्र (Sociology) ................. 1 पद

(xx) संगणक विज्ञान (Computer Science) ......... 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)

5. गोंय संगीत महाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापकः

(i) गायन (Vocal) .................. 1 पद

**(ii) तबला (Tabla) .................... 1 पद**

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- **45 वर्सां परस उणी**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक: (i)** पदवुत्तर पदवी पांवड्यार बर्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55% गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांल्यान तत्सम पदवी. **(ii)** सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा **(NET)/** राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा **(SET)** सक्तीची आसतली तथापी, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, म्हाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर **NET/ SET** ची किमान पात्रताय अटीचे आवयश्यकतायेची सूट दितले. **(iii)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**टीपः कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ही अट सदळ करूंक शकता.**

**ऐच्छिकः** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम.फील (ii)मराठीचें गिन्यान.